# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेची परबीं

ता. 8 ऑक्टोबर 2024

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दुर्गा पुजा उत्सवाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दुर्गा पुजा हो आमच्या देशांतलो एक म्हत्वाचो उत्सव आसा आनी हो उत्सव दर वर्सा व्हडा दबाज्यान आनी स्नेहभावनेन मनयतात. दुर्गामाता देवीची पुजा भक्तांक भंय, नकारात्मक विचार पयस करपाक आनी शांतीकाय निर्माण करपाक मजत करता. हो दीस दुर्गा माता देवीन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दुर्गा पुजा उत्सव सद्गुणांनी वायट शक्तीचेर, उजवाडान काळखाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आनी संवसाराचे रक्षण करपाक ईश्वरी शक्ती आसा.

दुर्गा पुजा उत्सवाच्या प्रसंगार हांव माता दुर्गा देवीलागी आमकां सगळ्यांक खुशालकाय आनी भरभराटीच्या जीणेखातीर आनी आमच्या सोबीत राज्यांतलो तशेंच देशांतलो सामाजीक आनी सांस्कृतीक सलोखो मजबूत जावपाक आशिर्वाद दिवपाची प्रार्थना करता, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/553

--
-----------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.